Panaji National 8th December 2025 8.40am

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक 150वर्सा पुराय जाल्ल्या निमतान आज लोकसभेंत खाशेली चर्चा जातली.

भारत आयज सावन अमूर्त सांस्कृतिक दायजाची राखण करपा खातीर आंतरसरकारी समिती-आयसीएचचे २० वे सत्र आयोजित करतलो.
भारतान ह्या वर्सा युनेस्कोच्या अमूर्त दायज वळेरेंत दिवाळीचो आस्पाव करपाचो प्रस्ताव मांडला.

गोंय पुलिसांनी हडफड्या नाईट क्लबांत भिरांकूळ उजो लागल्या उपरांत क्लबाचो सरव्यवस्थापक आनी तीन कर्मचाऱ्यां सयत चार जाणांक अटक केल्या.

दादल्यांच्या कनिश्ट हॉकी विश्वचषकाच्या उपांत्य फेरयेंत जर्मनीन यजमान भारताचो 5-1 असो पराभव केलो.

Vande mataram – 80
वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक 150वर्सा पुराय जाल्ल्या निमतान आज लोकसभेंत खाशेली चर्चा जातली. अधिकृत सूत्रांनी दिलल्या म्हायती प्रमाण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे चर्चेची सुरवात करतले. हे चर्चे खातीर धा वरां थारायल्यात.फाटल्या सप्तकांत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी सांगिल्लें, चर्चा दनपारां 12 वरांचेर सुरू जातली. तांणी सांगलें, वेंचणूक सुदारणां विशीं मंगळारा लोकसभेंत चर्चा जातली. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले सर्वपक्षीय बसकेंत हो निर्णय जाल्लो. संसदेचे कामकाज सुरळीत चलूंक दिवचे अशें सरकारान सगल्या पक्ष फुडाऱ्यांक आवाहन केलां.
ICH – 90
भारत आयज सावन ह्या म्हयन्याचे 13 तारखेपर्यंत नवी दिल्लीत लाल किल्ल्यांत अमूर्त सांस्कृतिक दायजाची राखण करपा खातीर आंतरसरकारी समिती-आयसीएचचे २० वे सत्र आयोजित करतलो. ह्या सत्राची अध्यक्षता युनेस्कोंत

भारताचे राजदूत आनी कायम प्रतिनिधी विशाल व्ही. शर्मा करतले. भारतान ह्या वर्सा युनेस्कोच्या अमूर्त दायज वळेरेंत दिवाळीचो आस्पाव करपाचो प्रस्ताव मांडला.दिवाळेचो उत्सव बंधुता, करुणा, उजवाड, सामुहीक उत्सव हांचे प्रतीक. स्वतंत्र मूल्यांकन संस्थांनी आदीं नियाळ घेतिल्ल्या ह्या प्रस्तावाचेर चालू अधिवेशनांत चर्चा जातली आनी ताचो सकारात्मक परिणाम जातलो असो सरकाराक विस्वास आसा अशें केंद्रीय संस्कृती आनी पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत हांणी सांगलें.

MP – 80

मध्य प्रदेशांत काल धा माओवाद्यांनी मुख्यमंत्री डॉ मोहन यादव हांच्या हाजिरेंत बालाघाट जिल्हयांत आत्मसमर्पण केले. 77 लाख रुपयांचे बक्षीस आशिल्ले मोस्ट वांटेड कमांडर सुरेंद्र उर्फ कबीर हाचो तातूंत आस्पाव आसा. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान नक्सलवाद पुरायपणान ना करपाक आनी मध्य प्रदेश नक्सली हिंसाचारांतल्यान मुक्त करपाक राज्य सरकार कटिबद्ध आसा अशें सांगलें. सरकारच्या पुनर्वसन धोरणाक लागून दिशाभूल जालल्या व्यक्तींक मुख्य प्रवाहात परत येवपा खातीर, सन्मानान तांचे जीवन परत उबरपाखातीर आणि समाजात परत एकरूप जावपाक मार्ग मोकळा जाला, असे तांणी नमूद केले.

Mah – 90

राज्यांतल्या अवकाळी पावसाचो परिणाम जाल्ल्या 90 लाख शेतकारांतल्या 92 टक्के शेतकारांक अर्थीक मजत मेळ्ळया अशें महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी काल सांगले. पडताळणी प्रक्रिया पुराय जातकच उरिल्ल्या शेतकारांकय मजत दितले अशें तांणी सांगलें. विधानसभेच्या शिंयाळी अधिवेशनाच्या पूर्वसांजेर काल नागपूरांत पत्रकार परिशदेत फडणवीस हाणी हि म्हायती दिली. महाराष्ट्र विधानसभेचें शिंयाळी अधिवेशन आज सुरू जाता आनी तें ह्या म्हयन्याचे 14 तारखे मेरेन चलतलें.विरोधी पक्षांच्या आरोपांक जाप दितना मुख्यमंत्र्यान म्हणलें, महाराष्ट्र हें देशांतलें अर्थीक नदरेन बळिश्ट राज्यांतलें एक राज्य आनी कल्याणकारी येवजण्यो चालीक लावपाक फावो तो निधी उपलब्ध आसा.

SIR – 110

वेंचणूक आयोगान दिल्ल्या माहिती प्रमाण स्पेशल इंटेन्सिव्ह रिव्हिजन (SIR) च्या दुसऱ्या टप्प्याच्या सुरुवाती सावन मतदारांक 50 कोटी 94 लाखां परस चड गणना फॉर्म वांटल्यात. या टप्प्यात आस्पाव आशिल्ल्या ५१ कोटी मतदारांपैकी ९९.९४

टक्के मतदारांचो हातूंत आस्पाव जाता. आतां मेरेन 50 कोटी परस चड फॉर्म डिजिटायज जाल्यात अशें आयोगान सांगलें. मतदार वळेरीच्या एस.आय.आर. चो दुसरो पांवडो फाटल्या म्हयन्याच्या ४ तारखेक णव राज्यां आनी तीन केंद्रशासित प्रदेशांनि सुरू जालो.छत्तीसगढ, गोंय, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, राजस्थान, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल, पुडुचेरी, लक्षद्वीप, अंडमान आनी निकोबार जुंवे अशी हि राज्या आनी केंद्र शासित प्रदेश आसात.फुडल्या वर्सा 14 फेब्रुवारीक निमाणी मतदार वळेरी उजवाडाक आयले उपरांत मतदार वळेरेची व्हडली सुदारणा पुराय जातली.

हडफडे उजो- सी एम

हडफडे बर्च बाय रोमियो लेन ह्या क्लबात घडिल्ल्या उजाच्या घडणूकेक जापसालदार आशिल्ल्या अधिका-यांचेर शिस्तभंगाची कारवाय जातली, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी काल घेतील्ल्या पत्रकार परिशदेत दिल्या. क्लबाक दिल्या तरेकवार परवान्या प्रकरणी सरकारान दोन अधिकाऱ्यां सयत तेन्नाच्या पंचायत सचिवांक निलंबित केल्या.प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्यो तेन्नाच्यो वांगडी सचीव डॉ. शमिला मोंतेरो, पंचायत संचालक सिद्धी हळर्णकार आनी हडफडे - नागवा पंचायतीचे सचीव रघुवीर बागकार हांका निलंबित केल्या. उजो लागिल्या क्लबाक मान्यताय दिवपा सयत घडणुकेक जापसालदार आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांचेर शिस्तभंगाची कारवाय जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी पत्रकार परिशदेंत स्पश्ट केले. ह्या घडणूकेत मरण आयिल्ल्यांच्या कुटुंबियांक राज्य सरकारावतीन दरेकी ५ लाख रुपया जाल्यार जखमींक ५० हजारांची अर्थिकमजत दितले. हे वेळार मुखार उलयताना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.... byte

इतले मजगती क्लबाचे सरवेवस्थापक राजीव मोडक, वेवस्थापक विवेक सिंग राजीव सिंघानीया आनी प्रियांशु ठाकूर हांका अटके केल्या. मालक सौरभ लुथरा, गौरव लुथरा हांचो सोद घेवपाखातीर गोंय पुलिस दिल्लीक रवाना जाल्यात. तांच्या आड गुन्यांव नोंद केला अशी म्हायती पोलिस म्हासंचालक अलोक कुमार हांणी दिल्या.

Amit Shah – 30

गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी काल गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. गोटांत मिनी स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्स आनी अहमदाबाद महानगरपालिकेच्या वेगवेगळ्या लोक केंद्रीत प्रकल्पांची बुन्याद गृहमंत्र्यानि घाली.

IMD – 30

छत्तीसगड, मध्य प्रदेश, ओडिशा, आनी विदर्भच्या काय वाठारांनी आज शी पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तशेंच अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल ह्या वाठारांनीय गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय आसा.

Leh – Manali – 60

हवामान आनी शियांचे दिस लक्षात घेत, 428 किमी लांब लेह-मनाली राष्ट्रीय म्हामार्ग-3 आयच्यान वाहनां खातीर अधिकृतपणान बंद केला. लेह-मनाली म्हामार्गाचेर वचपी चारय पासांतल्यान बर्फ निवळ केल्या उपरांत फुडल्या वर्सा मेरेन हो महामार्ग येरादारी खातीर उक्तो जातलो. लद्दाख पुलिसांनी महामार्ग बंद केल्ल्याची म्हायती दिल्या. लेह-मनाली राष्ट्रीय महामार्ग हो लडाख या केंद्रशासित प्रदेशाखातीर दुसरो कनेक्टिव्हिटी महामार्ग, जो लेहक हिमाचल प्रदेशातल्या मनाली कडेन जोडता.

ISSF – 45

दोहात काल जाल्ल्या आयएसएसएफ शूटिंग वर्ल्ड कप फायनल 2025 त सिमरनप्रीत कौर ब्रार हांणी बायलांच्या 25 मीटर पिस्तल फायनलींत भांगरा पदक, जाल्यार दादल्यांच्या 50 मीटर 3 पोजीशनांत ऐश्वर्या प्रताप सिंग तोमर हांणी रुप्या पदक आनी अनिशान दादल्यांच्या 25 मीटर रॅपिड फायर पिस्तल सर्तीत रुप्या पदक जिखलें.

Hockey –90

दादल्यांच्या कनिश्ट हॉकी विश्वचषकाच्या उपांत्य फेरयेंत जर्मनीन यजमान भारताचो 5-1 असो पराभव केलो. काल रातीं चेन्नयच्या मेयर राधाकृष्णन हॉकी स्टेडियमांत ही मॅच जाली. जर्मनी खातीर लुकास कोसेल, टायटस वेक्स, जोनास जर्सम आनी बेन हाशबॅक हांणी गोल केल्ले. भारता खातीर एकमेव गोल अनमोल

एकक्कान केलो. क्वार्टर फायनलींत पेनल्टी शूटआउटांत बेल्जियमाक हारोवन भारत उपांत्य फेरयेंत पावलो. भारतान दोन फावटीं दादल्यांच्या कनिश्ट हॉकी विश्वचषकाचो खिताब जिखला.

आतां बुधवारा भारत आर्जेन्टिना आड कांस्य पदका खातीर खेळटलो, जाल्यार जर्मनी आनी स्पेन मजगती फायनलीचो खेळ जातलो. हाचे आदीं स्पेनान पयल्या उपांत्य फेरयेंत आर्जेन्टिनाचो 2-1 असो पराभव केल्लो.